Panaji national

26.5.25 at 6.30pm

Pm guj 100

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज गुजरातातल्या दाहोद हांगा भारतीय रेल्वेच्या लोकोमोटिव्ह मॅन्युफॅक्चरिंग प्लांटचे उक्तावण केले. या प्लांटातल्यान घरगुती आणि निर्याती खातीर ९००० अश्वशक्तीचे इलेक्ट्रिक लोकोमोटिव्ह तयार करतले.मोदी हाणी या प्लांटातल्यान तयार केल्या पयल्या इलेक्ट्रिक लोकोमोटिव्हाक पाचवो बावटो दाखयलो. लोकोमोटिव भारतीय रेल्वेची मालवाहतूक क्षमता वा डोवपाक मदत करतलो. हे लोकोमोटिव्ह रिजनरेटिव्ह ब्रेकिंग सिस्टीमान सुसज्ज आसतले आणि ऊर्जा वापर कमी करपाक डिझाइन करतले. जाकालागुन पर्यावरणीय शाश्वततेक हातभार लागतलो. आकाशवाणी न्यूज कडे उलयताना, पश्चिम रेल्वेचे मुख्य जनसंपर्क अधिकारी विनीत अभिषेक हाणी म्हणले की, लोकोमोटिव्ह मॅन्युफॅक्चरिंग प्लांट फक्त भारताच्याच न्हय तर जगाच्यो गरजो पुराय करतलो  आणि  वेगवेगळे आफ्रिकन आणि युरोपीय देशानी निर्यात करपाक खुप तरेची इंजिना तयार करतले

Pm guj 2 60

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणले की, आज १.४ अब्ज भारतीय एकजूट जाऊन देशाक विकसित भारत करपाक अथक परिश्रम करतात. गुजरातात दाहोद हांगा आयोजित एका रॅलीत ते उलयताले. देशाच्या प्रगतीक आवश्यक आशिल्यो सगळ्यो गजाली भारतातच तयार जावुक जाय ही सध्याची मागणी आसा. आज देशात आधुनिक वाहना धावतात  आणि हाचे एक व्हड कारण म्हणजे आपल्या देशान विकसित केले नवीन तंत्रज्ञान आणि तरुण कामगार वर्ग अशे ताणी म्हणले

Pm 11 years 50

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज आपल्या पदाची अकरा वर्सा पुराय केल्या. २०१४ त ह्याच दिसा मोदींनी भारताचे प्रधान मंत्री म्हण सापुत घेतिलो . देशाच्या आधुनिक राजकीय इतिहासातलो हो एक महत्त्वाचा पावंडो आशिल्लो कारण हाकालागुन भारतातल्या ३० वर्षांच्या युती राजकारणाचो युग सोपलो आणि लोकांनी भाजपाक स्पष्ट आणि निर्णायक जनादेश दिलो

Pak 90

हालीच्याच उपग्रह फोटो वेल्यान अशे दिसून आयला की भारताच्या 'ऑपरेशन सिंदूर' वेळार पाकिस्तानच्या धोरणात्मकदृष्ट्या महत्त्वाच्या नूर खान एअरबेसाचे आदी दिशील्ले ताचे परस चड नुकसान जाला पाकिस्तानच्या ड्रोन आणि व्हीआयपी हवाई ताफ्या खातीर एक महत्वाचे केंद्र नूर खान, इस्लामाबादपासून २५ किलोमीटरपरस कमी अंतराचेर रावळपिंडीन आसा. हो तळ एक उच्च-मूल्यवान लक्ष्य आसा, जो पाकिस्तानी हवाई दलाच्या प्रमुख मालमत्तांचे घर आसा. सोशल मीडिया पोस्टात, संरक्षण विश्लेषक डेमियन सायमन हांणी बरयला की, पाकिस्तानातल्या नूर खान एअरबेसच्या पुनरावलोकनातल्यान अशे दिसून येता की भारताच्या स्ट्राइक स्थानाकडलो पुराय कॉम्प्लेक्स आता उद्ध्वस्त केला,हाचे वेल्यान भारतीय हवाई दलाच्या अचूक हल्ल्यांचो कथित प्रभाव वाढला

Jha 80

भारतान वेगवेगळ्या देशांक भेट दिवन संवसारीक पांवड्यार आतंकवादाक तेको दिवपाचे पाकिस्तानाचे नापाक हेत उक्ते करपाचें काम चालूच दवरलां आनी ह्या धोक्याचेर शून्य सहनशीलतेचो नवी दिल्लीचो संदेश पसरायला अशी खबर आसा JDUचे खासदार संजय कुमार झा हांच्या फुडारपणा खाला सर्वपक्षीय शिष्टमंडळान आयज दक्षिण कोरियांतल्या सिओलांतल्या थिंक-टँका कडेन संवाद सादलो आनी

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो उल्लेख करून फाटल्या 40 वर्सां सावन आतंकवादाक प्रोत्साहन दिवप हें पाकिस्तानाचें धोरण आशिल्ल्याचेर उजवाड घालो.. संजय झाच्या फुडारपणा खाला एका शिश्टमंडळान कोरिया-भारत संसदीय इश्टागत गटाचे अध्यक्ष युन हो-जंग हांचे कडेय बसका घेतली.

Tharoor 90

कॉँग्रेस खासदार शशी थरूर हाणी म्हणला की, पाकिस्तानकडच्यान जावपी सीमापार दहशतवादाचो फुड़ो करपाक भारताकडे आता एक नवीन दृष्टिकोन आसा आणि अशा गुन्हयांवात सहभागी आशिल्या कोणा कुय शिक्षा झाल्याशिवाय रावची ना. अमेरिकेत न्यू यॉर्कत एका सामुदायिक कार्यक्रमात ते उलयताले.

Sports  70

भारतीय बॉक्सर पवन बर्टवाल हाणे काल बँकॉकात जाल्या चौथ्या थायलंड ओपन इंटरनॅशनल बॉक्सिंग सर्तींत दादल्यांच्या ५५ किलो वजनी गटाच्या उपांत्यपूर्व फेरयेत प्रवेश केला. नॅशनल चॅम्पियनशिपात रुपयापदक जैतिवंत बर्टवालान बरी कुशळताय  आणि रणनीती दाख यली. २६ वसाच्या या खेळ गड्यान ताच्या प्रतिस्पर्ध्याआड बेस बरो खेळ केलो. बर्टवालाचो या स्पर्धेत हो सलग दुसरो विजय भारतान या स्पर्धेत १९ सदस्यीय पंगड धाडला, जातुन चीन, कझाकस्तान, उझबेकिस्तान, दक्षिण कोरिया आणि थायलंड सारख्या देशांचे अव्वल बॉक्सर आसात